आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा विभागा

Panaji regional 10 feb 2026 at 7.20 pm

मुखेल खबरो

- वीज बिल मेळ्ळ्या उपरांत पंदरा दिसां भितर गिरायकांक फारीक करचें पडटलें. नाजाल्यार फकत सात दिसांची नोटीस दिवन वीज कापतले अशी शिटकावणी खात्याचे मंत्री सुदीन ढवळीकारान दिल्या.
- 2026 वर्साचो गोंय कार्निवाल 13 ते 17 फेब्रुवारी मेरेन मनयतले, तातूंत गोंयचे संस्कृतायेचेर भर दिवपी floats परेड जातली.
- पीडीए कॉलोनीच्या 200 वयर घरां खातीर stp प्लांट स्थापन करपाच्या संदर्भांत सांड उदक म्हामंडळाचे अध्यक्ष sankalp amonkar हांणी आयज कुंबरजुआ मतदारसंघांतल्या खोरले गांवांतल्या पीडीए colonyक भेट दिली
- गोंय शालान्त मंडळाच्या बारावीच्या परीक्षेक आयज मंगळार सावन सुरवात जाली.

बिल 150

वीज बिल मेळ्ळ्या उपरांत पंदरा दिसां भितर गिरायकांक फारीक करचें पडटलें. नाजाल्यार फकत सात दिसांची नोटीस दिवन वीज कापतले अशी शिटकावणी खात्याचे मंत्री सुदीन ढवळीकारान दिल्या. धवलीकार हानी म्हणलें, हो सरकारी नियम अस्तित्वांत आसा. आतां फकत ताची प्रभावीपणान अंमलबजावणी जातली. पयलीं बिल भरूंक ना जाल्यार उशीराची फी लायताले. आतां तें लावचे बदला सात दिसांची नोटीस दिवन फुडलें बिल येवचे पयलीं थेट वीज कापुन उडयतले. गोंयांत वीज निर्माण जायना. देखून भायल्यान खरेदी करची पडटा. वीज खरेदी करपाक आमकां फकत तीन चार दीस मेळटात. देखून वीज गिरायकां कडल्यान मेळपी येणावळ बिलाच्या रुपांतय आमकां वेळार मेळपाक जाय.अशे तानी सांगले. इतलीं खर पावलां

उबारले बगर येणावळ येवची ना. आतां गिरायकां खातीर ऑनलायन बिलां फारीक करपाची सुविधा आसा. क्यूआर कोड, बँके वरवीं बिलां फारीक करूं येतात. थेट वीज बंद जायसर लोकांनी वाट पळोवची न्हय. नोटीस मेळ्ळ्या उपरांत लेगीत तांणी बिलां फारीक करचीं. एकदां जोडणी काडून उडयल्या उपरांत तें परतून जोडपा खातीर दुप्पट पैशे फारीक करचें पडटलें.

Rashmi carnival 90

2026 वर्साचो गोंय कार्निवाल 13 ते 17 फेब्रुवारी मेरेन मनयतले, तातूंत गोंयचे संस्कृतायेचेर भर दिवपी floats परेड जातली. 13 फेब्रुवारीक परवरी carnavalacho curtain raiser जातलो., उपरांत 14 फेब्रुवारीक पंणजी, 15 फेब्रुवारीक मडगांव, 16 फेब्रुवारीक वास्को हांगा भव्य परेड करून कार्नेवलाची सुरवात जातली आनी 17 फेब्रुवारीक म्हापसा आनी मोरजी हांगा कार्नावलाचो निमणो दीस आसतलो.कार्नावल महोत्सवाच्या आयोजना खातीर अंदु एक पूज्य त्रेपपन कोटी रूपया पर्यटन खाते खर्च करतले. जाल्यार अंदुचो कींग मोमो म्हण सेड्रीक डीकोस्टा हाची निवड जाल्या अशि म्हायती गोय पर्यटन खात्याचे वेवस्थापकीय संचालक कुलदीप आरोलकार हांणी पणजे पर्यटन भवनात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दीला.Byte - kuldeep arolkar

Sewerage 55

सांड उदक म्हामंडळाचे अध्यक्ष sankalp amonkar हांणी आयज कुंबरजुआ मतदारसंघांतल्या खोरले गांवांतल्या पीडीए colonyक भेट दिली. अमोणकारा वांगडा थळावे आमदार राजेश फळदेसाय आनी पीडीए कॉलोनीचे थळावे लोक हाजिर आशिल्ले.पीडीए कॉलोनीच्या 200 वयर घरां खातीर सांड उदक सुदधिकरण करपी प्लांट म्हणलयार stp प्लांट स्थापन करपाच्या संदर्भांत ही तपासणी आशिल्ली. तपासणी वेळार उलयतना अध्यक्ष आनी आमदार amonkar हांणी सांगलें की ताचें खातें बेगीनांत बेगीन काम सुरू करपाचो यत्न करता.

गणेश 50

गोंय शालान्त मंडळाच्या बारावीच्या परीक्षेक आयज मंगळार सावन सुरवात जाली. कला, वाणीज्य आनी विज्ञान शाखे खातीर आयज पयलो पेपर जालो. फाल्या बुदवारा वेवसायिक शाखेचो पयलो पेपर जातलो. हे परीक्षेखातीर 17 हजार byayshi विद्यार्थ्यांची नोंद जाल्या. कला, वाणीज्य आनी विज्ञान शाखेचो निमणो पेपर 23 फेब्रुवारीक जातलो. हाचे उपरांत तांत्रीक विशयांचे पेपर आसतले.

Dip festival 140

चालू फेब्रुवारी म्हयन्यात आनी फुडल्या मार्च म्हयन्यात दक्षीण गोंय आनी कुशावती जिल्ह्यांत जावपी शिगमो, कार्निव्हल आनी छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सारख्या भौशीक उत्सवांच्या फांटभूंयेर दोनीय जिल्ह्यांचे उपजिल्हाधिकारी आनी उपविभागीय दंडाधिकाऱ्यांनी तांच्या संबंदीत अधिकारक्षेत्रात सगळ्या वेवस्थांचे नियोजन, पर्यवेक्षण आनी देखरेख करपाचे निर्देश जिल्होधिकाऱ्यान दिल्या दोनीय जिल्ह्यांनी कायदो आनी सुवेवस्था, भौशीक सुरक्षा आनी प्रभावी वेवस्थापन राखपा खातीर पुलीस यंत्रणां, नगरपालिका, भलायकी सेवा, उजो पालोवपी यंत्रणां, येरादारी विभाग आनी हेर संबंदीत यंत्रणांच्या समन्वयान आवश्यक प्रशासकीय उपाय करपाक सांगला.

कार्यक्रम आयोजकांनी ध्वनी यंत्रणां, डीजे, चित्ररथ, स्टेज आनी हेर गजाली खातीर लागू आशिल्लें नेम, सुरक्षा आनी हेर मार्गदर्शक तत्त्वांक पाळो दिवप आवश्यक आसा. उत्सवाच्या काळात शांतीकाय, सुरक्षीतता आनी सलोखो राखपा खातीर लोकांनी सहकार्य करचे, अशें जिल्हा प्रशासनान मागला.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रयावेल्यान आयकतात

आता मुखवेलयो खबरो

Strike Rashmi 60

केंद्र सरकाराच्या कामगार विरोधी आनी शेतकार विरोधी धोरणांचो निशेध करपाच्या फांटभुयेर All india trade union congress गोंय आनी गोंयच्यो संघटना 12 फेब्रुवारी 2026 दिसा देशभरांत संप करतले. ह्या संपाच्या फांटभुयेर कदंबा बस स्टँडा सावन पणजे आझाद मैदान मेरेन पणजेंत सामुहीक रॅली जातली, तातूंत जायत्या क्षेत्रांतले कामगार वांटो घेतले.देशभरात ह्या दीसा आयटकान संप पुकारला अशी म्हायती आयटकचे सरचीटणिस आनी कामगार फुडारी christopher fonseca हांणी दीला.byte- christopher fonseca

Dip strike govt 30

गोंय सरकारान गोंय अत्यावश्यक सेवा देखरेख कायदो, एकोनिषेआठयायशी खाला आनी भौशीक हिताखातीर गोंय राज्यांत जमीन वा उदका मार्गान प्रवासी वा म्हाल येरादारी करपी सगळ्या तरेच्या येरादारी सेवांक कसल्याय स्वरूपात संप करपाक तात्काळ बंदी लागू केल्या.

Sushant 50

दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायतीचे आदले वांगडी परेश पांडुरंग नायक हांकां आयज सकाळीं काळजाच्या आता/कान मरण आयलें. तांची पिराय बावन वर्सां आसली. आयज सांजवेळार तांचे कुडीचेर निमणे संस्कार जाले.परेश नायक हे दवर्ली पंचायतीचे आदले सरपंच आसले आनी दवर्ली जिल्हो पंचायत मतदारसंघाचे वांगडी आसले. भारतीय जनता पक्षाचे ते सक्रीय कार्यकर्ते आशिल्ले. ह्या आदी तांणी नावेली भाजप मंडळाचे अध्यक्षपदय सांभाळ्ळा.

राजेश 40

गोवा कला अकादमी आयोजित 56 वी मराठी ब गट नाट्य सर्तीक काल 9 फेब्रुवारी 2026 दीस साखळीच्या रवींद्र भवनात सुरुवात जाली. काल उक्तावण सुवाळ्या उप्रांत दानव हे नाटक सादर जाले. हे नाट्यसर्तीत एकूण वीस नाटका सादर जातली. 13 फेब्रुवारी दीस नाट्यसर्तीचो समारोप जातलो.

राजेश

साखळी युवा उत्सव च्या अंतर्गत घेतिल्या विंगड विंगड विंगड सर्तींच्या जैतीवंताक इनामां भेटोवपाखातीर खास इनाम वाटप सुवाळो साखळेच्या रवींद्र भवानात जालो .या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हणून रामुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसले. मुख्यमंत्री तशेच हेर मानेस्तांचे हस्तुकी जैतिवंतांक इनामां भेटोवपात आयली.

Voter 60

मतदार वळेरी निरिक्षक 12 फेब्रुवारी 2026 दिसा सांजेच्या 4.00 वराचेर रूम नं. 407, सेमिनार हॉल, माथानी साल्दाना प्रशासकीय प्रकल्प, चवथो माळो, फातोर्डा-मडगांव हांगा सर्वसामान्य लोकांचे कसलेय दावे वा प्रस्न आसल्यार ते स्विकारपा खातीर उपलब्ध आसतले. भारतीय वेंचणूक आयोगान सचीव (महसूल) संदीप जॅकीस हांची सध्या चालू आशिल्ल्या विशेश मतदार वळेरी उजळणी मोहिमेच्या काळात गोंय राज्या खातीर मतदार वळेरी निरिक्षक म्हणून नेमणूक केल्ली आसा.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजीत कमाल तापमान बत्तीस पूज्य चार

डिग्री सेल्सियस तर किमान तापमान एकोणीस पूज्य दोन डिग्री सेल्सियस नोंद जाला.

स्पोर्ट्स 50

गोंय खेळां आनी युवा वेव्हार खातें हांणी आयोजीत केल्ले पेडणें म्हाल पांवड्या वयले हँडबॉल सर्तीत देवसूंच्या प्रज्ञा हायस्कूलांcho 14 वर्सा खालच्या चलयांच्या हँडबॉल पंगड जैतीवंत थारलो . कोरगांवच्या सरकारी भीमराव आंबेडकर मैदानार आयोजीत केल्ले हे सर्तीत प्रज्ञा हायस्कूलांतल्या चलयांच्या पंगडान हें जैत जोडलें. जैतीवंत पंगडांक खेळां शिक्षक संदेश सावंत हांचें मार्गदर्शन लाबलें.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- वीज बिल मेळ्ळ्या उपरांत पंदरा दिसां भितर गिरायकांक फारीक करचें पडटलें. नाजाल्यार फकत सात दिसांची नोटीस दिवन वीज कापतले अशी शिटकावणी खात्याचे मंत्री सुदीन ढवळीकारान दिल्या.
- 2026 वर्साचो गोंय कार्निवाल 13 ते 17 फेब्रुवारी मेरेन मनयतले, तातूंत गोंयचे संस्कृतायेचेर भर दिवपी floats परेड जातली.
- पीडीए कॉलोनीच्या 200 वयर घरां खातीर stp प्लांट स्थापन करपाच्या संदर्भांत सांड उदक म्हामंडळाचे अध्यक्ष sankalp amonkar हांणी आयज कुंबरजुआ मतदारसंघांतल्या खोरले गांवांतल्या पीडीए colonyक भेट दिली
- चालू फेब्रुवारी म्हयन्यात आनी फुडल्या मार्च म्हयन्यात दक्षीण गोंय आनी कुशावती जिल्ह्यांत जावपी भौशीक उत्सवांच्या फांटभूंयेर उपजिल्हाधिकारी आनी उपविभागीय दंडाधिकाऱ्यांनी तांच्या संबंदीत अधिकारक्षेत्रात सगळ्या वेवस्थांचे नियोजन, पर्यवेक्षण आनी देखरेख करपाचे निर्देश जिल्होधिकाऱ्यान दिल्या